Panaji Regional 27th July 2025 7.20pm

MKB – 365

एकविसाव्या  शेंकड्यांतल्या भारतांत विज्ञान नव्या उर्जेन मुखार वता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना  मोदी हांणी भारतीय वायुसेना गटाचे कॅप्टन शुभंशु शुक्ला अंतरिक्षांतल्यान परत आयल्ल्या  विशीं उलयले. तांणी नमूद केले की भारतीय अंतराळवीर पृथ्वीचेर सुरक्षित परत येतकिर आनंदाची लाट उसळली आनी पुराय देशाक अभिमान जालो. भुरगीं विज्ञान आनी अंतरिक्ष हांचेविशीं जिज्ञासा दाखोवंक लागले, अंतरिक्ष शास्त्रज्ञ जावपाची महत्वाकांक्षा निर्माण जाली अशें तांणी सांगलें.

युनेस्कोन 12 मराठा किल्ल्यांक संवसारीक दायज स्थळ म्हूण जाहीर केल्ल्या खातीर प्रधानमंत्र्यानि अभिमान व्यक्त केलो. तातूंतले ११ किल्ले महाराष्ट्रांत आनी १ किल्लो तमिळनाडूंत आसा.मोगलांचो पराभव जाल्ल्या सल्हेर किल्ल्यासावन छत्रपती शिवाजी महाराजाचो जल्म जाल्ल्या शिवनेरी किल्ल्यामेरेन दर एका किल्ल्याचो गिरेस्त इतिहास आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी विस्तारान सांगलें.

७ ऑगस्ट १९०५ सावन सुरू जाल्ले स्वदेशी चळवळीविशीं प्रधानमंत्री उलयले. ह्या चळवळीक लागून थळाव्या उत्पादनांक आनी खास करून हातमागाच्या क्षेत्राक नवी उर्जा मेळ्ळी. हाच्या उगडासात देश दर वर्सा 7 ऑगस्टाक राश्ट्रीय हातमाग दीस मनयतात. मोदी हांणी सांगलें की ह्या वर्सा राष्ट्रीय हातमाग दिसाक 10 वर्सां पुराय जातात.

वस्त्रोद्याग क्षेत्र भारता खातीर फकत अर्थीक क्षेत्र न्हय, तर आमच्या संस्कृतीक विविधतायेचें एक उदाहरण अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. आज वस्त्रोद्याग आणि तयार कपड्यांची बाजारपेठ नेटान वाडत आसा ह्या खातीर तांणी खोस उक्तायली. सध्या देशांत तीन हजारां परस चड कापड स्टार्टअप सक्रीय आसात अशे तांणी सांगले.

मन की बातांत प्रधानमंत्री लोकगीतां आनी परंपरेच्या विविधतायेचेरूय उलयले. सण आनी परंपरा हे भारतीय संस्कृतीचे एक मोठे आधारस्तंभ अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. वर्तमान आनी इतिहासाचें दस्तावेजीकरण करप म्हत्वाचें अशें तांणी म्हळें.

अमेरिकेंत जाल्ल्या वर्ल्ड पुलिस आनी  फायर गेम्सत भारतान सुमार सशें पदकां जिखून इतिहास रचलो, अशी घोषणा प्रधानमंत्र्यानी केली. संवसारभरांतले पुलीस, उजो पालोवपी दलाचे जवान आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांनी हे सर्तींत वांटो घेतिल्लो आनी  71 देशां मदीं भारत पयल्या तीन देशां मदीं आशिल्लो.2029 वर्सा भारतांत हे खेळ आयोजीत करतले अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

स्वच्छ भारत मिशनाक बेगीनूच 11 वर्सां पुराय जातली ह्या खातीर प्रधानमंत्र्यानि समाधान उक्तायलें. हें मिशन एक जन आंदोलन जालां अशें तांणी सांगलें.

Ganesh –  50

 दर्यादेगांचेर वा पर्यटन थळांचेर पर्यटकांक वस्तू विकत घेवपाक तांच्या फाटीक लागप आतां म्हारग पडटलें.  तशेंच टावट्स वा हेरां कडल्यान क्रुज बोटी वा हे सेवांची तिकेटी विकपाक ५ हजार रूपया ते १ लाख रुपयां मेरेन दंड जातलो. पर्यटन स्थळां जपप आनी तांचो सांबाळ, दुरूस्ती विधेयक फाल्यां सोमारा चर्चेक येतलें.

Rashmi – 360

गोंयची राजधानी पणजी शाराक  स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी राश्ट्रपती पुरस्कार फावो जाल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज "मन की बात" ह्या कार्यावळीवरवी गोंयचे अभिनंदन केला. पणजे  शारात कोयराचे 16 प्रकारत विभागणी करुन ताचो रितसर विल्हो लायतात, महत्वाचे  म्हणल्यार पणजेच्या

कोयर प्रकल्पात हे काम बायलां करतात अशे म्हणीत प्रधानमंत्री नरेंद मोद हांणी ह्या बायलांची तुस्त केला.

आयच्या "मन की बात" च्या कार्यावळीत पणजीच्या स्वच्छतेच्या यत्नांची तोखणाय केल्ल्या खातीर मानादीक प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी जी हांचे उपकार मानतां. कोयर वेवस्थापनांत फुडाकार घेवपी अविश्वसनीय बायलांक परबीं. तांच्या समर्पणाक लागून पणजी शाराच्या नितळसाण मळार बदल जालाच पूण शाराक प्रतिश्ठीत स्वच्छ सर्वेक्षण राष्ट्रपती पुरस्कार मेळ्ळा. ही मान्यताय आमकां नितळ, पाचवी, आनी टिकावू गोंयाचे दिकेन वावर चालू दवरपाची प्रेरणा दिता अशी प्रतीक्रीया मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयच्या" मन की बात" ह्या कार्यावळी उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोंयचो उल्लेख कूल्या उपरांत दीला.

स्वच्छतेक सच्चे महत्व दियत जाल्यारुच देश स्व्चछ उरतलो, हाका लागुन स्वच्छतेक जण एक नागरीकान महत्व दिवचे अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.

स्वच्छ भारत उपक्रमाक 11 वर्सा पुराय जाल्यात, ह्या 11 वर्सात देशात स्वच्छता हे जन भागिदारीतल्यान स्वच्छतेप्रती एक जनआंदोलन जायत चल्ला ही तुस्त करपासारखी बाब आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.

गोंयासयत, उत्तराखंण्ड, मंगळुर, अरुणाचल प्रदेशातलो रोईंग गांव, कराड, विजयवाडा, भोपाळ, अहमदाबाद शारानी वेगेवगळया मळार स्वच्छदेतो आदर्श देशवासियांमुखार दवरला अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बित वरवी आयज गोंयाक स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी गोंयाक पुरस्कार फावो जाल्ल्या बद्दल परबी भेटयला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मार्गदर्शनाखिला देशभर सुरू जाल्ले स्वच्छ भारत उपक्रम हो एक महत्वाचो उपक्रम अशे गोंयचे नगर नियोजन खित्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी गोंयची राजधानी पणजी शाराक पुरस्कार मेळिल्ल्या बद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात वरवी गोंयाक परबी दील्ल्याबद्दल मंत्री विश्वजीत राणे हांणी खोस उक्तायला.ह्यानफुडे लेगीत गोयांक नितळ दवरपाची मोहीम तीतक्याच नेटान सुरू उरतली अशे तांणी म्हळा.

Play byte of vishwajit rane – (minister for town and country planning)

पणजे शाराक नितळ दवरप हे तशे व्हड आवाहनुच आशील्ले ,मात म्हापालीकेच्या स्वच्छतेच्या कामात शिस्त हाडुन पणजेक स्वच्छ शार करपाक पणजी म्हापालीकाक येस आयले,म्हापालीकेच्या स्वच्छता कामगारांनी केल्ले कामलेगुत तुस्त करपासारखे आसा अशे पणजी शार म्हापालीकेचे मेयर रोहीत मोन्सेरात हांणी ह्यावेळार म्हणला.

Rashmi – CM – 80

आयच्या "मन की बात" च्या कार्यावळीत पणजीच्या स्वच्छतेच्या यत्नांची तोखणाय केल्ल्या खातीर मानादीक प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी जी हांचे उपकार मानतां. कोयर वेवस्थापनांत फुडाकार घेवपी अविश्वसनीय बायलांक परबीं. तांच्या समर्पणाक लागून पणजी शाराच्या नितळसाण मळार बदल जालाच पूण शाराक प्रतिश्ठीत स्वच्छ सर्वेक्षण राष्ट्रपती पुरस्कार मेळ्ळा. ही मान्यताय आमकां नितळ, पाचवी, आनी टिकावू गोंयाचे दिकेन वावर चालू दवरपाची प्रेरणा दिता अशी प्रतीक्रीया मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयच्या" मन की बात" ह्या कार्यावळी उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोंयचो उल्लेख कूल्या उपरांत दीला.

Sports – 90

दुलीप करंड क्रिकेट सर्तींत दक्षीण विभागाचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर गोंयच्या स्नेहल कवठणकाराची निवड जाली. काल पुडुचेरींत दक्षीण विभागाचो पंगड वेंचपा खातीर बसका जाली. हातूंत गोंय क्रिकेट संघटणेचे प्रतिनिधित्व धीरज नार्वेकारान केलें. गोंयचो अश्टतासांचो खेळगडो मोहित रेडकार हाका राखीव खेळगड्यां मदीं सुवात दिल्या.

कालचे बसकेंत जीसीएचें प्रतिनिधित्व रणजी निवड समितीचे अध्यक्ष धीरज नार्वेकार हांणी केलें. दक्षीण विभागाचें मुखेलपद हैदराबादाचो आनी आयपीएलांत मुंयय इंडियन्सा वतीन खेळपी तिलक वर्मा करतलो.

स्नेहलान प्लेट गटांत गोंया खातीर 7 डावांनी 949 धांवड्यो केल्ल्यो. हातूंत तीन शेंकड्यांचो आनी दोन अर्द शेंकड्यांचो आस्पाव आशिल्लो. मोहित रेडकारान 6 मॅचींतल्यान 23 विकेटी घेतिल्ल्यो.

Weather – 125

गोंयांत 1 जून ते 26 जुलय जगतीं सरासरी 76.42 इंच पावसाची बंद जाल्या. गोंयांत 20 मे 26 जुलय मजगतीं सरासरी 101.52 इंच पावसाची नोंद जाल्या. शेनवारा गोंयांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची नोंद जाली.

हवामान खात्यान 27 ते 29 जुलय मेरेन मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण ह्या तीन दिसां खातीर पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला. जाल्यार 30, 31 जुलय आनी 1 ऑगस्यक तुरळक पावसाची शक्यताय आशिल्ल्यान कसलोच अलर्ट दिवंक ना.

शेनवारा पणजे चड चड 28.5 इंच जाल्यार उण्ड उणें तापमान 24.3 अंश सेल्सिय तापमानाची नोंद जाल्या, मुरगांव चडांत चड तापमान 27.6 अ जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 24 अंश सेल्सियस आशिल्लें.

गोंयांत फुडले पांच दीस चड चड तापमान 29 ते 30 अंश जाल्य उण्यांत उणें तापमान 25 अ सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यता हवामान खात्यान उक्तायल्या.